०५-०३-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो :

अर्थसंकल्प सूचोवण्यो - ७०

24-26 मार्च ह्या काळात जावपी गोंय सरकाराचे अर्थसंकल्प अधिवेशनाच्या फांटभुयेर गोंय सरकाराच्या अर्थ खात्यान गोंयच्या नागरीकांकडल्यान सुचोवण्यो, तशेच कल्पना कळीत करपाक खासा वेबसायट सुरु केला.

विकसित गोंय करपाखातीर नागरीकांनी ताच्यो मोलादिक सुचोवण्यो budget.goa.gov.in ह्या संकेतस्थळाचेर वचुन नोंद करच्यो अशें आवाहन मुखेलमंत्री तशेंच अर्थ मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. विकसित गोवा 2025-26 च्या नदरेतल्यान सरकार नागरीकांच्यो सुचोवण्यो लक्षात घेवन ते प्रमाण नियोजन आनी आखणी करपाच्या नदरेतल्यान काम करपाक महत्व दितले अशेंय मुखेलमंत्र्यानी म्हळा.

दामोदर नायक - १२०

एक राष्ट्र, एक वेचणूक संकल्पना सर्वसामान्यामदी व्हरात, हेवरवी देशाच्या उदरगतीक कशी चालना मेळतली ते विंशी लोकांक सांगात अशें आवाहन गोंय भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी समाज माध्यमाच्या influencersआंक केला. ह्या संकल्पनेक लागुन प्रशासन सुटसुटीत करपाक, तशेंच सर्वसामान्याक बरी सेवा, तशेंच वेचणुको घेवपाक येवपी खर्चाचेर नियंत्रण येतले, अशेंय तांणी म्हळे.

गोंय भाजपान राज्यातल्या सोशल माध्यमाच्या influencers वांगडा मंगळारा खासा बसका घेतली. one nation one election संकल्पनेची सर्वसामान्य मनशामदी जागृताय करपाक influencers बरी कामगिरी करपाक शकता, ताका लागुन ह्या माध्यमाचो उपेग करपाचे भाजपान येवजीला अशेंय दामोदर नायक हांणी ह्यावेळार सांगले.

ही बसका पणजे इन्स्टीटुट मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरात जाली. ह्यावेळार वन नेशन वन इलेक्शऩ उपक्रमाचे सम्नवयक विश्वास सतरकार, भाजपाच्या आय.टी विभागाचे निमंत्रक सिध्दार्थ कुंकळ्येकार, तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

Converge 2.0 – ११०

Converge 2.0 उपक्रमाचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्य हस्तुकी उक्तावण जाले. Upskill,, scale up, succed ह्या संकल्पनेचेर ही कार्यावळ आयोजित केल्ली.

नाविन्याचो ध्यास घेयात, नव्यो संकल्पना उजवाडाक येवपाच्या हेतान Converge उपक्रम सुरु केला. विद्यार्थ्यांनी तांच्या नाविन्यपुर्ण संकल्पनेतल्यान स्टार्ट अप करपाक मुखार सरपाक जाय, अशे केल्यार फुडारात तांचो स्वताचो वेवसाय सुरु जातलो, तो एक बरो वेवसायिक जांवक शकता, आनी खुपश्या जणांक रोजगार दिंवक शकता अशे मत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी उक्तायले. शिक्षण घेताना विद्यार्थ्यांमदी नाविन्याचो ध्यास घेवपाची आवड तयार जावची, तांचो फुडार घडचो, ह्या हेतान सरकार ह्या उपक्रमाचे आयोजन करता अशी म्हायतीय मुखेलमंत्र्यानी ह्यावेळार दिली.

ह्या कार्यावळीत 40 महाविद्यालयांच्या विद्यार्थ्यांनी वाटो घेतिल्लो. कार्यावळ पणजे दोनापावला राजभवनाच्या दरबार सभाघरात जाली.

वनतारा - ६०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल गुजरातातल्या जामनगरात वनतारा ह्या खाशेल्या रानजीव संवर्धन, सुटका आनी पुनर्वसन उपक्रमाचे उक्तावण केले. अनंत अंबानी आनी तांच्या वांगड्यांची ह्या मायेस्त यत्नाविशी प्रधानमंत्र्यांनी हेवेळार तोखणाय केली. वनतारा जनावरांखातीर सुरक्षित रावपाची सूवात आसा. पर्यावरणाची शाश्वतताय आनी रानजीवांच्या कल्याणाखातीर लेगित हेवरवी ऊर्बा मेळतली अशें ताणी हेवेळार म्हळे.

"वनतारासारखो उपक्रम खरोच तोखणाय करपा सारखोच आसा. अशें प्रधानमंत्र्यांनी आपल्या सोशल मीडिया पोस्टात म्हळा.

कुशळटाय उदरगत आनी उद्देजकता संचालनालयान मुखेलमंत्री कौशल्य पथ येवजणे खाला तासीका तत्वाचेर व्याख्याते पदां खातीर अर्ज मागयल्यात. गोंय सीएसआर प्राधिकरणाच्या सहकार्यान हांतूत १ हजार गोंयकार तरणाट्यांक खासा प्रशिक्षण मेळटलें. रोजगारक्षमताय आनी उद्देजक कुशळटाय वाडोवपाक ह्या उपक्रमाचो लाव जातलो. पात्र वेवसायीक आनी अणभव आशिल्ले उद्देजक

लेगीत तासिका तत्वावेल्या व्याख्यातो पदा खातीर अर्ज करूंक शकतात. शिकोवपाचो अणभव आशिल्ल्या एमबीए पदवीधर व्याख्यात्यांक दर वराक २५० रुपया दितले, जाल्यार उद्देजकता प्रशिक्षणाक तज्ञ व्यक्तींक दर सत्रांक देड हजार रुपया मानधन मेळटले. इत्सूक उमेदवारांनी cmkps-dsde@goa.gov.in ह्या ईमेलाचेर ऑनलायन अर्ज करचे वा पणजेंतल्या डीएसडीई कार्यालयांत कागदोपत्री अर्ज सादर करचें अशें ह्या विशिंच्या खबरेंत म्हळां.

८०

भारतीय नागरी सुरक्षा संहिता भारतीय न्याय संहिता आणि भारतीय साक्ष अधिनियम या तीन नव्या फौजदारी कायद्यांच्या प्रभावी अंमलबजावणे बाबतीत गाय एक आदर्श राज्य जातले हे खातील प्रयत्न करचे अशी सुचवणी केंद्रीय घर मंत्री अमित शहा हांणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांका दिली. नवी दिल्लीत झालेल्या बसकेत नव्या कायद्यातल्या पोलीस बदखण न्यायालया फौजदारी खटले चलोवप  ह्या संबंधित तजवीजेचे अंमलबजावणीचे नदरेन अमित शहा आणि डॉक्टर सावंत यांच्या कड ल्यान  नियाळ घेतलो . केंद्रीय घर सचिव गोविंद मोहन, गोंयचे मुखेल सचिव पोलीस महासंचालक आणि हेर अधिकारी ह्या  बसकेक हाजीर आशीले.